**राज्य सगळें बाबतीत सक्षम आनी निरोगी आसपाक जाय - शिरोडकर**

ता. 17 ऑगस्ट 2022

गोंय राज्याक सक्षम आनी निरोगी करपा खातीर आमी शिक्षणीक आनी भलायकीच्या मळावयल्या उदरगतीकडेन लक्ष केंद्रित करपाची गरज आसा. राज्य हे सगळें बाबतीत सक्षम आनी निरोगी आसपाक जाय, अशें उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी सांगलें.

श्री. शिरोडकर आयज रवींद्र भवन, मडगाव हांगा गोंय सरकारान स्थापन केल्ल्या होमिओपॅथी मंडळान भलायकी सेवा संचालनालयाच्या राष्ट्रीय क्षयरोग निर्मूलन कार्यक्रमाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या क्षयरोगावयले निरंतर वैद्यकीय शिक्षण कार्यक्रमात उलयताले.

देशाक मेळील्ल्या स्वातंत्र्याच्या वारशाविशीं कृतज्ञताय उक्तावन श्री शिरोडकर हांणी म्हणले, आझादी का अमृत महोत्सवानिमतान देशभर आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमाच्यो स्मृती आमच्या मनात जाग्यो दवरून आमी स्वातंत्र्याच्या 100 व्या वर्साकडेन वाटचाल करूया. हर घर तिरंगा चो उलो मारून प्रधानमंत्र्यानी दूरदर्शीपणा दाखोवपाचे काम केला, अशेंय तांणी म्हणलें.

श्री. शिरोडकर हांणी म्हणलें, भारत हो एक विशाल देश आसा आनी ह्या देशांत साबार दुयेंसां, म्हामारी आसात आनी येवन गेल्यो, पुण लोक आनी वैजकी मळावयल्या तज्ञांच्या सहकार्यान आमी ताचेर मात केल्ली आसा. गोंय राज्यातल्यान क्षयरोगाचेय निर्मुलन जाल्ले आसा. क्षयरोगाक पयस दवरपा खातीर होमिओपॅथ, एलोपॅथ आनी हेर सगळ्या वैजकी मळांचेर काम जावपाक जाय. राज्य सरकार आपल्या लोकांक बऱ्यातल्यो बऱ्यों भलायकी सेवा दिवपाक कटिबद्ध आसा. आमी आळस पयस करून निरोगी जीण जगपाक जाय. अशेंय तांणी सांगलें.

गोवा बोर्ड ऑफ होमिओपॅथीचे अध्यक्ष श्री बिपीन साळकर हांचेय ह्या वेळार भाशण जाले. दक्षीण गोंय जिल्हा हॉस्पिटलाचे डॉ राजेंद्र देसाई; सहयोगी प्राध्यापक डॉ. लिंगराज मकदूम हांणी क्षयरोग दुयेंस आनी उपायांविशीं म्हायती दिली.

उपाध्यक्ष डॉ. एडगर मिनेझिस हेवूय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें. रजिस्टार डॉ. राजेंद्र काणेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. जाल्यार डॉ. मर्लिन तेलीस हांणी उपकार मानले. डॉ.प्रतिष्ठा कुंकळ्ळीकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/476

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji